ANA – 16

FR. AGNEL COLLEGE OF ARTS & COMMERCE LIBRARY PILAR GOA

S.T., B.A. (Semester – V) Examination, Oct./Nov. 2009
KONKANI (Paper – V) (A)
(History of Konkani Language and Literature)

Duration: 2 Hours | Max. Marks: 80

*सुचोवणी : 1) **सगले** प्रस्न **सक्तीचे** आसात.*
*2) प्रस्ना **सामकार** दरेकल्याचे **गूण** दाखयल्यात.*

I. खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : 16

क) श्री चावुण्डराजे करवियलें हें कोंकणी वाक्य हें सांगपाक खंयचे पुरावे मेळटात ?

ख) 'पुर्तुगेजापयलीं कोंकणी भाशेंत साहित्य आशिल्लें' ह्या विधानाची सत्यताय पटोवन सांगात.

II. खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : 16

च) डॉ. कुन्हा रिव्हारा हाणी कोंकणी भाशेक दिल्ल्या योगदानाविशीं बरयात.

छ) 16 व्या 17 व्या शेकड्यांत जाल्ल्या साहित्यीक योगदानाविशीं बरयात.

III. खयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : 12

ट) इंक्विजीशनाक लागून कोंकणी भाशेचेर जाल्लो परिणाम बरयात.

ठ) रामायण आनी महाभारत ह्या बरपावळीचें भाशीक खाशेलेपण सांगात.

IV. खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात : 12

त) मों. दाल्गाद हांच्या कोंकणी योगदानाविशीं खोलायेन बरयात.

थ) एदेबुदेजा हाणी कोंकणी भाशेक दिल्ल्या योगदानाविशीं विस्तारान बरयात.

द) मिशनरी पाद्रीनीं रचिल्ल्या कोंकणी व्याकरणांची म्हायती दियात.

V. खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात : 12

प) कोंकणी भाशेच्या उगमाविशीं विस्तारान बरयात.

फ) 'पाव गा दातारा' ह्या नामदेवाच्या गवळणींतल्यान कोंकणी भाशेचो दिश्टावो कसो घडटा ?

ब) गाश्पार द सां मिंगेल हाणी केल्ल्या कोंकणी भाशीक योगदानाविशीं बरयात.

VI. खंयच्याय **दोन** विशयांचेर टिपो बरयात : 12

1) मिशनरी पाद्रीनीं रचिल्ले शब्दकोश

2) लिळाचरित्र आनी ज्ञानेश्वरींत मेळिल्ली कोंकणी उतरावळ

3) कोंकणीचें मर्णाचें फर्माण

4) थॉमस स्टीफन्स हांचें कोंकणी साहित्यीक योगदान.

ANA – 14

FR. AGNEL COLLEGE OF ARTS & COMMERCE PILAR GOA

## B.A. V Semester Examination, October/November 2009
## KONKANI (Paper – III)
## Functional Konkani (A)

Duration : 2 Hours Total Marks : 80

1. सकयल विचारिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **16**

   अ) सगल्या सरकारी हॉस्पिटलांनी गरजेची नितळसाण राखची अशा आशयाच्या भलायकी खात्यान धाडिल्ल्या परिपत्रकाचो नमुनो बरयात.

   ब) एका महाविद्यालयान आपल्या परिसरांत शिगार ओडपाचेर तशेंच गुटखो खावपाचेर बंदी घातल्या अशा आशयाच्या आदेशाचो नमुनो बरयात.

   क) वीज खात्यान एका गिरायकाक धाडिल्ल्या बील भरपासंबंदांतल्या उगडास–पत्राचो नमुनो बरयात.

2. सकयल विचारिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **16**

   अ) एका महिला–मंडळाच्या वर्सुकी बसकेच्या इतिवृत्ताचो नमुनो बरयात.

   ब) श्री. प्रशांत कामत हांची नेमणूक 'दै. लोकदूत'ह्या दिसाळ्यांत पेडणे म्हालाचो 'खबरांकार' म्हण जाल्या. तेसंबंदीच्या नेमणूक–पत्राचो नमुनो बरयात.

   क) एका महाविद्यालयाचो वर्सुकी अहवाल बरयात.

3. अ) ' रेडियो मिर्ची ' ह्या केंद्राचेर कोंकणी निवेदकाचे सुवातपासत धाडपाच्या नोकरी–अर्जाचो नमुनो बरयात. **12**

   वा

   ब) एके खाजगी शाळेंत इतिहास विशयाच्या शिक्षकाची सुवात रिती आसा. तेसंबंदीच्या नोकरी–अर्जाचो नमुनो बरयात. **12**

4. अ) एके खाजगी कंपनीच्या संचालकाक एका दिसाची अवचीत रजा जाय.तेसंबंदीच्या रजा–अर्जाचो नमुनो बरयात. **12**

   वा

   ब) एका सरकारी अधिकाऱ्याक काळजाच्या दुयेंसाचेर उपचार करपाखातीर तीन म्हयन्यांची दुयेंस रजा–जाय. तेसंबंदीच्या अर्जाचो नमुनो बरयात. **12**

5. अ) एका शारांत जाल्ल्या गाडयांच्या अपघाताचे खबरेचो खबरापत्राक धाडपाचो नमुनो बरयात. 1

वा

ब) येरादारीक लागून जावपी आवाजाच्या प्रदुशणाविशीं खबरापत्राक धाडपाच्या कागाळ–पत्राचो नमुनो बरयात. 1

6. अ) एका खेळगड्याची दूरदर्शनाचेर मुलाखत घेवपाखातीर प्रस्नावळ बरयात. 1

वा

ब) एके टी. व्ही. कंपनीचे दिसाळ्याखातीरचे जायरातीचो नमुनो बरयात. 1

---

FR. AGNEL COLLEGE ... LIBRARY PILAR GOA

ANA – 15

# B.A. (Semester – V) Examination, Oct./Nov. 2009
## KONKANI (Paper – IV (A))
## Novel as a Literary Form (A)

Duration : 2 Hours Max. Marks : 80

**सुचोवणी :** 1) सगळे प्रस्न सक्तिचे आसात.
2) प्रस्ना सामकार दरेकाचे गूण दाखयल्यात.

1. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरोवची. 16

अ) हेर साहित्य प्रकाराच्या मानान कादंबरी आपलें वेगळें स्वरूप घेवन येता. ह्या विधानाचेर उजवाड घालात.

ब) पाश्चात्य आनी भारतीय जाणकारांनी केल्ल्या व्याख्यांचेर चर्चा करात.

2. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरोवची. 16

अ) संवसारीक कादंबरेचो इतिहास थोडेभीतर सांगात.

ब) कोंकणी साहित्यिकांनी कादंबरी साहित्याचें दालन कशे तरेन वाडयलां हें देखीसयत सांगात.

3. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरोवची. 12

अ) तरेकवार घटकांच्या आदारान कादंबरी साहित्य प्रकार आकार घेता. कसो तें देखी दिवन सांगात.

ब) कादंबरी साहित्याचे वेगवेगळे प्रकार खंयचे ते बरयात.

4. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरोवची. 12

अ) साबार नवलिका कोंकणी साहित्यांत आयल्यात, ह्या विधानाचेर देखीसयत उजवाड घालात.

ब) वेगवेगळ्या लिपयांनी निर्माण जाल्ल्या कादंबऱ्यांचो नियाळ करात.

5. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **दोनांचें** संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 12

अ) "इतलें कितलें रीण आसा तर तुमचेर ?" ब) "वयतात खंय ते सावकारा वांगडा ?"

क) "नाका पुता, हांव हांगाच पडटा." ड) "पूण आमचो दिसावडो गा ?"

6. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **दोनांचेर** टिपो बरयात. 12

अ) "आवय-भुरग्यांचे त्रास. दगदग. ब) अरण्याचें चित्रण.

क) अरण्यकांड नवलिकेंतलें भाशेचें खाशेलपण. ड) 'खंयच्याय एका पात्राचें चित्रण.'

---

T. Y. B. A. OCT 2010
KONK
FR. AGNEL COLLEGE OF ARTS & COMMERCE, PILAR GOA LIBRARY

**AA – 13**

**B.A. (Semester – V) Examination, Oct./Nov. 2010**
**KONKANI (KN (MJ) 05)**
**Functional Konkani (Part – I)**

Duration : 2 Hours Total Marks : 80

I. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो बरयात. 16

अ) दिवाळेची सुटी दोन दिसांनी वाडयल्या अशें परिपत्रक शिक्षण खात्याचे वतीन तयार करात.

ब) रस्तो रूंद करपाचे नदरेन रस्त्यावेली कांय घरां सरकारान मोडपाचीं थारायल्यांत. त्या घरमालकांक धाडपाचो सरकारी आदेश तयार करात.

क) वाचनालयांतलीं व्हेल्लीं पुस्तकां परत हाडून दिवचीं अशें उगडासपत्र ग्रंथपालाचे वतीन तयार करात.

II. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो बरयात. 16

अ) नावेलीं पंचायतीची ग्रामसभा जाली अशें समजून तिचें इतिवृत्त तयार करात.

ब) बि. शिवराम हाची पर्यटन खात्याचे संचालक म्हूण नेमणूक जाल्या अशें समजून ताचे नेमणुकेचें पत्र तयार करात.

क) तुमच्या महाविद्यालयांतल्या कोंकणी विभागाचो वर्सुकी अहवाल तयार करात.

III. अ) शिंपणे खात्यांत एका लिपीकाची सुवात रिती आसा अशें समजून ते सुवातेखातीर एक अर्ज तयार करात. 12

वा

ब) आल्मेदा हायस्कूल फोंडें–गोंय. हांगा एका विज्ञान शिक्षकाची सुतात रिती आसा अशें समजून ते सुवातेपासत अर्ज तयार करात.

IV. अ) गोंय सरकाराच्या वीज खात्यांत काम करपी एका कारकुनाक मलेरियाचें दुयेंस जालां. ताणे मागिल्ल्या दुयेंस–रजेचो नमुनो तयार करात. 12

वा

ब) सरकारी हायस्कूल सावर्डें-गोंय हांगा शिकोवणी एके शिक्षिकेक बिनपगारी रजा जाय. ते रजेचो नमुनो तयार करात.

V. अ) तुमच्या महाविद्यालयांत जाल्ल्या कवीसंमेलनाची खबर दिसाळयाक धाडपाक तयार करात. 12

वा

ब) आकांताच्या पावसाक लागून एका अनाथ मनशाचें घर मोडून पडलें. देखून लोकांनीं ताका आदार करचो अशें आवाहन खबरेपत्राखातीर तयार करात.

VI. अ) कवी अरूण साखरदांडे हाका हया वर्साचो साहित्य अकादमी पुरस्कार फावो जाला अशें समजून खबरेपत्राखातीर ताची मुलाखत घेवपाक एक प्रस्नवळेरी तयार करात. 12

वा

ब) दूरदर्शनाखातीर एका थंडेच्या वखदाची जायरात तयार करात.

———————

FR. AGNEL COLLEGE OF ARTS & COMMERCE, PILAR GOA LIBRARY

**AA – 14**

# B.A. (Semester V) Examination, Oct./Nov. 2010
## KN (MJ) – 06 : KONKANI (Paper – VI)
## Novel as a Literary Form (Part – I)

Duration : 2 Hours | Total Marks : 80

*सुचोवणी :* *1) सगळे प्रस्न सक्तिचे आसात.*
*2) प्रस्ना सामकार दरेकाचे **गूण** दाखयल्यात.*

1. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : **16**

अ) कादंबरीच्यो विंगड-विंगड व्याख्या बरोवन तिचें स्वरुप स्पष्ट करात.

ब) कादंबरीची मूळ संकल्पना सांगून हेर साहित्य--प्रकारांसावन ती वेगली कशी तें बरयात.

2. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : **16**

अ) संवसारीक पावंड्यावेल्या कादंबरीचो इतिहास बरयात.

ब) कोंकणी कादंबरीचो इतिहास बरयात.

3. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : **12**

अ) कादंबरीचे घटक खंयचे तें सांगून दरेकाची विस्कटावणी करात.

ब) कादंबरीचे प्रकार सांगून दरेका प्रकाराविशीं खोलायेन बरयात.

4. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : **12**

अ) कोंकणी नवलिकांच्या मुखेल पावंड्यांविशीं विस्तारान बरयात.

ब) कोंकणी नवलिका विंगड- विंगड लिपयांनी कशी फुलून आयल्या ? देखींसयत सांगात.

5. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोनांचें** संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : 12

अ) 'आमी अशें करुंया, कांय दीस न्हंये तडीर खंयूय वचून रावंया'.

ब) 'खोंप काय जायना, तें आमचें घर आसलें '.

क) 'हो कोंबो रांदूंक जाय आतां. सांगा तुमच्या बायलांक'.

ड) 'तूं चड हया झाडार. पळय न्हंय खंय पावल्या ती '.

6. सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय **दोन** विशयांचेर टिपो बरयात : 12

अ) 'अरण्यकांड' नवलिकेंतली खाशेली उतरावळ.

ब) 'अरण्यकांड' नवलिकेंतलें उदक आनी उदकास्त्रोत.

क) 'बाळप्पा' चें व्यक्ती-चित्रण.

ड) 'अरण्यकांड ' नवलिकेंतली बायलां.

## B.A. (Semester – V) Examination, Oct./Nov. 2010
## KONKANI
## KN (MJ) 07 : History of Konkani Language and Literature (Part – I)

uration : 2 Hours Max. Marks : 80

FR. AGNEL COLLEGE OF ARTS & COMMERCE, LIBRARY, PILAR GOA

*सुचोवणी :* *1) सगले प्रस्न **सक्तीचे** आसात.*
*2) प्रस्नांसामकार दरेकाचे **गूण** दाखयल्यात.*

I. खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : 16

अ) कोंकणीतल्या पयल्या शिलालेखाचेर विस्तारान बरयात.

आ) पूर्तूगेज गोयांत येवचे आदल्या कोंकणी साहित्याचेर उजवाड घालात.

II. खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : 16

इ) जेज्वीत आनी फ्रांसिस्कन पाद्रींनी केल्ल्या साहित्यीक वावराचेर चर्चा करात.

ई) इन्क्वीजिशनाचो कोंकणी भाशेचेर कसो परिणाम जालो तें विस्कटावन बरयात.

III. खंयच्याय **एका** प्रस्नाची जाप बरयात : 12

क) कोंकणी शब्दकोश आनी व्याकरणांच्या वावराचो इतिहासीक नियाळ घेयात.

ख) कोंकणी रामायण आनी महाभारताच्या हातबरपांविशी भासाभास करात.

IV. खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात : 12

ट) कुञ रिव्हार हाणी कोंकणी समाजाक कशेतरेन जाग हाडली तें दाखोवन दियात.

ठ) मो. दाल्गादांच्या कोंकणी वावराविशीं चर्चा करात.

ड) कोंकणीच्या मर्णाच्या फर्माणाचेर थोडेभितर बरयात.

V. खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात : 12

प) लिळा चरित्र आनी ज्ञानेश्वरींत मेळपी कोंकणी उतरावळीचेर तुमचीं मतां मांडात.

फ) कोंकणी भाशेच्या उगमाविशी विस्तारान बरयात.

ब) संत नामदेवाच्या कोंकणी बरपावळीविशीं विस्तारान बरयात.

VI. टिपो बरयात (खंयच्योय दोन) : 12

1) कोंकणीची देंवती वाट

2) जेज्वीत पंथ आनी कोंकणीचो वावर

3) कोंकणीतले फातर पटे आनी ताम्रपटे

4) कोंकणी शब्दकोश आनी व्याकरणां.

---

B - 105 (Pages : 02) JO - 19

[Total No. of Questions : 6]

# B.A. (Semester - V) Examination, Oct./Nov. - 2011
# KONKANI
## KN (MJ) - 05 : Functional Konkani - I
## (Part - A)

**Duration : 2 Hours** **Total Marks : 80**

ARTS & COMMERCE COLLEGE LIBRARY PILAR GOA

---

**सूचोवणी :** *सगळे प्रस्न सक्तिचे आसात.*

*प्रस्न 1)* सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **[16]**

अ) सरकारी कार्यालयांनी सगळे राष्ट्रीय सण सकाळीं 9.00 वरांचेर मनोवचे अशा आशयाचें मुखेल सचीव, गोंय सरकार हांणी काडिल्लें एक परिपत्रक तयार करात.

ब) सौ. रूपा नायक हांची पेडणे सरकारी माध्यमीक विद्यालयांतल्यान सांखळी सरकारी माध्यमीक विद्यालयांत बदली केल्या असो आदेश गोंय सरकाराच्या शिक्षण खात्यान काडला ताचो नमुनो तयार करात.

क) बिम्ब प्रकाशनाकडेन मागिल्लीं पुस्तकां पावंक नात हे पासत प्रगती उच्च माध्यमीक विद्यालय, बोरी हांचेवतीन काडिल्ल्या उगडासपत्राचो नमुनो तयार करात.

*प्रस्न 2)* सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **[16]**

अ) अन्नपूर्णा महिला मंडळाच्यो तुमी सचीव आसात तें संस्थेची वर्सुकी बसका जाल्या अशें समजून इतिवृत्त बरयात.

ब) शारदा उच्च माध्यमीक विद्यालयांत रोहन नायक हांची गणीत विशयाच्या शिक्षकाचे सुवातेपासत नेमणूक जाल्या अशें समजून तांचें नेमणूक पत्र तयार करात.

क) अंत्रुज घुडयो हे सांस्कृतीक संस्थेचो वर्सुकी अहवाल बरयात.

*प्रस्न 3)* अ) वि. पी. के. बँकेच्या फोंडेच्या फांटयात एका हिशोब अधिकाऱ्याची सुवात रिती आसा ते सुवातेक तुमी पात्र आसात अशें समजून अर्ज करात. **[12]**

वा

ब) एम. ई. एस. महाविद्यालयांत समाजशास्त्र विशयाच्या शिक्षकाची सुवात रिती आसा ते सुवातेपासत अर्ज करात.

प्रस्न 4) अ) संशोधन प्रकल्प पुराय करपापासत तुमकां दोन म्हयन्याची अभ्यास रजा जाय तेपासत तुमी शिकयता त्या महाविद्यालयाच्या प्राचार्यांकडेन अभ्यास रजेपासत अर्ज तयार करात. [12

वा

ब) केंद्रीय वाचपघरांत काम करपी कारकूनाक दम्याचें दुयेंस जालां तेपासत ताणें मागिल्ल्या दुयेंस रजेच नमुनो तयार करात.

प्रस्न 5) अ) तुमच्या महाविद्यालयांत जाल्ल्या शणै गोंयबाब कथाकथन सर्तीची खबर दिसाळयाक धाडपाक तय करात. [1

वा

ब) तुमी रावतात त्या वाठारांत रॅबीज जाल्ल्या रस्ताद सुण्यांचो बंदोबस्त करचो अशा आशयाचें कागाळ खबरापत्राखातीर तयार करात.

प्रस्न 6) अ) प्रा. भास्कर नायक हांकां उत्कृश्ट शिक्षक पुरस्कार फावो जाला अशें समजून दूरदर्शनापासत तांची मुलाखत घेवपाक एक प्रस्नवळेरी तयार करात. [1

वा

ब) आकाशवाणीखातीर एका मलमाची जायरात करपी मसुदो तयार करात.

⌘⌘⌘

- 106 (Pages : 02) JO - 20

otal No. of Questions : 6]

FR. AGNEL COLLEGE OF ARTS & COMMERCE LIBRARY PILAR, GOA

# B.A. (Semester - V) Examination, Oct./Nov. - 2011
# KONKANI
## KN (MJ) : Novel As a Literary Form - I
## (Paper – VI) (Part - I)

uration : 2 Hours Total Marks : 80

---

सूचोवणी : 1) *सगळे प्रस्न सक्तिचे आसात.*

2) *प्रस्ना सामकार दरेकाचे गूण दाखयल्यात.*

Q1) सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय <u>एका</u> प्रस्नाची जाप बरयात. [16]

अ) 'कादंबरी म्हळयार मनीस जिणेचेर मारिलपी फ्लड लायट' हया विधानाक धरुन कादंबरेचे स्वरूप स्पश्ट करात.

ब) भारतीय आनी पाश्चात्य अभ्यासकांनी दिल्ल्या कादंबरेच्या व्याख्यांचेर चर्चा करात.

Q2) सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय <u>एका</u> प्रस्नाची जाप बरयात. [16]

अ) कोंकणी कादंबरेची उदरगत कशी जाली तें तुमच्या उतरांनी मांडात.

ब) संवसारीक कादंबऱ्यांचो मोटव्यांत नियाळ घेयात आनी भारतीय कादंबऱ्यांचेर इतिहासीक नदर मारात.

Q3) सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय <u>एका</u> प्रस्नाची जाप बरयात. [12]

अ) कादंबरेच्या तरेकवार घटकांचेर उजवाड घालात.

ब) कादंबरेच्या प्रकारांचेर विस्तारान बरयात.

Q4) सकयल विचारिल्ल्या खंयच्याय <u>एका</u> प्रस्नाची जाप बरयात. [12]

अ) विंगड–विंगड लिपयांनी कोंकणी नवलिका कशी फुलून आयल्या ?

ब) कोंकणी नवलिकेतले तरेकवार प्रवाह तुमच्या उतरांनी मांडात.

Q5) सकयल दिल्ल्या संदर्भांचें स्पश्टीकरण करात. (खंयच्येय <u>दोन</u>): [12]

अ) 'हय तर उरफाटें ताच्याच आंगार देणे आसतलें'

ब) 'मगेर काम सोडून कित्याक गेले तर ते ?'

P.T.O.

क) म्हाका भुरगीं बीन कांय नाका गे दुरपदी होनये.

ड) 'ह्या वयल्या रानांत चुकून पाविल्लो, पावला पावलाक चुकत वयता.'

*प्रश्न 6)* टिपो बरयात. (खंयच्योय दोन):– [1

अ) 'अरण्यकांड' नवलिकेंतलीं मुखेल पात्रां.

ब) 'अरण्यकांड' नवलिकेंचे कथानक.

क) 'अरण्यकांड' नवलिकेंतलें वातावरण.

ड) 'अरण्यकांड' नवलिकेंतलें भाशीक दर्शन.

⌘⌘⌘

otal No. of Questions : 6]

**B.A. (Semester – V) Examination, Oct./Nov. - 2011**

**KONKANI**

**KN (MJ) 07 : HISTORY OF KONKANI LANGUAGE & LITERATURE - I**

**(Part - I) (Paper – VII)**

FR. AGNEL COLLEGE OF ARTS & COMMERCE LIBRARY

ration : 2 Hours **Total Marks : 80**

---

**सूचोवणी :** 1) *सगले प्रस्न सक्तीचे आसात.*

2) *प्रस्नां सामकार दरेकाचे गूण दाखयल्यात.*

*1)* सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप बरयात. **[16]**

अ) ''कोंकणी भाशेंतल्या शिलालेखांक लागून तिचो इतिहास स्पश्ट जाता.'' हया विधानाचेर तुमचीं मतां मांडात.

ब) ''पुर्तूगेज गोंयांत येवचे आदीं कोंकणी भाशेंतल्यांन जायतें साहित्य तयार जाल्लें'', अशें म्हणप कितलेंशें सारकें जातलें तें देखी सयत सांगात.

*2)* सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप बरयात. **[16]**

अ) ''मिशनीरी पाद्रीनीं तयार केल्लें कोंकणी साहित्य गोंयची कोंकणी भास जायती बदलपाक पावलें.'' हया विधानाचेर तुमचीं मतां मांडात.

ब) ''इंक्वीजिशनाक लागून गोंयांत कोंकणी भाशेची जितली जावपाक जाय आशिल्ली तितली उदरगत जावपाक पावलीना.'' हया विधानाचेर तुमचीं मतां सांगात.

*3)* सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप बरयात. **[12]**

अ) कोंकणी भाशेंतल्या उतरावळी आनी व्याकरणाच्या वावराचो नियाळ करात.

ब) गोंयांत पुर्तूगेजाच्या तेंपार कोंकणी भाशेंतल्यान जाय तसो वावर कित्याक जावपाक पावलोना तें देखी दिवन सांगात.

*4)* सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नाच्यो जापो बरयात. **[12]**

अ) डॉ कुञ रिवार हाणें कोंकणी भाशेखातीर केल्लो वावर खुब मोलादीक आशिल्लो. अशें म्हणप कितलेंशें सारकें जातलें ?

ब) पुर्तूगीजांच्या तेंपार गोंयकारांक कोंकणी भाशेची सेवा कित्याक करपाक मेळिनां तें देखी दिवन सांगात.

क) मों. सेबास्तियांव रूदोल्फ दाल्गाद हाणें कोंकणी भाशे खातीर कसलो वावर केलो तें देखी दिवन सांगात.

प्रस्न 5) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन</u> प्रस्नाच्यो जापो बरयात. [12

अ) संत नामदेवाच्या गवळणीक लागून आमकां कसलो पुरावो मेळटा तें देखी दिवन सांगात.

ब) कोंकणी रामायण आनी महाभारताचीं हात बरपां आमकां खंय खंय मेळटात तें देखीं सयत सांगात.

क) 16 व्या आनी 17 व्या शेकडयांत व्याकरणां आनी शब्दकोशांचो वावर कसो जालो ? तें सांगात.

प्रस्न 6) टिपो बरयात. (खंयच्योय दोन) [12

अ) कोंकणी भाशेचो उगम.

ब) कोंकणीतल्यो उतरावळी आनी शब्दकोश.

क) इंक्वीजिशनाचो कोंकणी भाशेचेर जाल्लो भाशीक परिणाम.

ङ) कोंकणीतलें पयलें नेमाळें आनी हेरवावर.

⌘⌘⌘